**<u>भलायकी मंत्र्याहस्तुकीं भलायकी क्षेत्राच्या आर्थिक स्थितीवयल्या परिशदेचे उकतावण</u>**

ता. 8 फेब्रुवारी 2020

भलायकी मंत्री श्री. विश्वजीत राणे हांचे हस्तुकीं आयज पणजे गोवा इन्स्टिट्युट ऑफ मॅनेजमेंट वतीन आयोजीत केल्ल्या "भारतातल्या भलायकी क्षेत्राची आर्थिक स्थिती" ह्या विशयावयल्या दुसऱ्या वर्सुकी भलायकी परिशदेचे उकतावण जाले. ह्या वेळार उलयताना भलायकी मंत्र्यान गोंय राज्यात भलायकी पर्यटनाच्या मळार गुंतवणूक करपाक खुप वाव आशिल्ल्याचे सांगून ह्या क्षेत्रात गंतवणूक करपाक सरकारा कडल्यान सदाच सहकार्य आसतले, अशें सांगले.

आयज प्रत्येकान आपल्या भलायकीची काळजी घेवपाची गरज आसा आनी कसल्याय दुयेंसाचे सुरवातीक निदान जावप गरजेचे आसा. गोंयात भलायकी विमा येवजण बरे तरेन चलता आनी ही येवजण आयुषमान भारत येवजणेकडेन जोडपाचो विचार आसा. सरकारान राज्यातल्या भलायकी केंद्रांनी दर्जेदार वैजकीय सुविधां उपलब्ध करपाक प्राधान्य दिल्ले आसून सुपर स्पेशलीटी वैजकीय सुविधां उपलब्ध करपा खातीर भौशीक-खाजगी सहभाग महत्वाचो आशिल्ल्याचेय भलायकी मंत्र्यान सांगले.

ह्या वेळार प्रमुख उपस्थितांमदी भारत सरकाराच्या निती आयोगाचे सल्लागार श्री. अलोक कुमार, डॉ. लाल पॅथलॅब्सचे अध्यक्ष आनी वेवस्थापकीय संचालक डॉ. अरविंद लाल, डिजिटल फ्युचर केंद्राचे अध्यक्ष श्री. आर. चंद्रशेखर, गोवा इन्स्टिट्युट ऑफ मॅनेजमेंटचे संचालक डॉ. अजीत परूळेकर आनी हेर मानेस्तांचो आसपाव आशिल्लो.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ 2020/120

--

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA